# एआय-सक्षम अल्ट्रापोर्टेबल डिजिटल एक्स-रे सिस्टीम सयत गोंयचें क्षयरोग मुक्त राज्याच्या दिकेन आनीक एक पावल

ता. 5 सप्टेंबर 2025

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या "क्षयरोग मुक्त भारत" ह्या दिश्टीकोना कडेन सुसंगत रावन, गोंय राज्य क्षयरोग मुक्त राज्य करपाच्या दिकेन सरकारचे यत्न चालू आसात, अशें भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी आयज पणजे इन्स्टिट्यूट ऑफ मेनेझिस ब्रागांझा सभाघरात हॉमध्ये आयोजीत एका विशेश कार्यक्रमात उलयतना सांगलें.

ह्या कार्यक्रमात रोटरी फाउंडेशन, रोटरी क्लब ऑफ पणजी रिव्हिएरा हांणी रोटरी क्लब ऑफ दोनापावला आनी रोटरी इंटरनॅशनल डिस्ट्रिक्ट्स - 3640 (दक्षीण कोरिया), 5930 (यूएसए) आनी 3170 (भारत) हांच्या सहकार्यान जागतिक अनुदान GG2478242 खाला गोंय सरकारच्या भलायकी सेवा संचालनालयाक एआय-सक्षम अल्ट्रापोर्टेबल डिजिटल एक्स-रे सिस्टम सुपूर्द केली.

ह्या कार्यक्रमात उलयतना, भलायकी मंत्र्यान गोंयच्यो पायाभूत भलायकी सुविधां बळकट करपात रोटरियन्सची म्हत्वाची भुमिका आशिल्ल्याचे सांगलें. टाटा मेमोरीयल सेंटराच्या सहकार्यान गोंयांत रोकडेच अत्याधुनिक कॅन्सर हॉस्पिटल सुरू जातले, अशी म्हायती भलायकी मंत्र्यान दिली. लोकांक बरी भलायकी सेवा दिवपा खातीर सरकारचे सतत यत्न चालू आशिल्ल्याचें सांगून श्री. राणे हांणी भलायकी सेवा संचालनालयाक अत्याधुनिक क्षयरोग तपासणी आनी निदान उपकरण दिल्ले खातीर रोटरी क्लबाचे उपकार मानले.

ह्या अनुदाना अंतर्गत, कृत्रिम बुद्धिमत्तेन सुसज्ज आशिल्ली प्रोराड अल्ट्रापोर्टेबल डिजिटल एक्स-रे सिस्टमच्यो चार युनिट्स नावेली, बेतकी, कुडतरी आनी खोर्ली ह्या चार प्राथमिक भलायकी केंद्रांक दिल्यात.

हो उपक्रम रोटरी पणजी रिव्हिएरा दोनापावला टीबी डायग्नोस्टिक्स अँड क्युअर प्रोग्रामाचो एक भाग आसा, जो 2025 मेरेन टीबी मुक्त भारताच्या प्रधानमंत्र्याच्या दिश्टीकोना कडेन सुसंगत एक जागतिक अनुदान कार्यक्रम आसा.

ह्या प्रकल्पाचो मुळावो उद्देश क्षयरोगाचे बेगीन निदान आनी वेळार उपचार करप आसा. खास करून ग्रामीण आनी दुर्गम भागांतल्या घटकांक हाचो फायदो जातलो. क्षयरोगा व्यतिरिक्त ही एआय-संचालीत एक्स-रे प्रणाली नियमित भलायकी तपासणी मजगती फुफ्फुसाचो कॅन्सर, फ्रॅक्चर आनी हेर छातयेच्या दुयेंसाचे निदान करपात लेगीत मजत जातली.

ह्या कार्यक्रमाक भलायकी सेवा संचालनालयाच्यो संचालक डॉ. रूपा नाईक; रॉटेरीयन शरद पै, जिल्हा गव्हर्नर 2024-25, आरआयडी 3170; रॉटेरीयन हाँग क्यू जो, जिल्हा गव्हर्नर 2024-25, आरआयडी 3640 दक्षीण कोरिया; राष्ट्रीय क्षयरोग निर्मूलन कार्यक्रमाचे मुख्य वैजकीय अधिकारी डॉ. मनीष गावणेकर; रॉटेरीयन जीत तोलानी; रॉटेरीयन अझीमा कुलकर्णी; रॉटेरीयन राजा मेलवानी; भलायकी सेवा संचालनालयाचे अधिकारी, डॉक्टर, वरिश्ठ रोटेरियन आनी हेर प्रतिनिधी उपस्थित आशिल्लें.

रोटरी क्लब पणजी रिव्हिएराच्यो अध्यक्षा रॉटेरीयन तन्वी सावंत हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो जाल्यार रोटरी क्लब ऑफ दोनापावलाचे सचीव रॉटेरीयन फिलिप अल्वारिस हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/729

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.